Panaji National 9th May 2026 8.40am

अस्तंत बंगालांतले भाजपाचो पयलो मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी आज सकाळीं कोलकाता हांगाच्या ब्रिगेड परेड मैदानाचेर सोपूत घेतले.

तमिळनाडूंत सरकार घडोवपा विशीं अनिश्चितताय चालूच आसा.

सरकारान लेफ्टनंट जनरल एन.एस. राजा सुब्रमणी हांची फुडलो 'चीफ ऑफ डिफेन्स स्टाफ' (CDS) म्हणून नियुक्ती केल्या.

भारतीय हवामान खात्यान IMD येत्या दोन दिसां खातीर केरळ, माहे, लक्षद्वीप, दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कारायकल वाठारांत उटनगराचो अदमास उक्तायला.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आज राजस्थान रॉयल्स आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं खेळ जातलो.

WB

अस्तंत बंगालांतले भाजपाचे पयले मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी आज सकाळीं कोलकाता हांगाच्या ब्रिगेड परेड मैदानाचेर सोपूत घेतले. काल कोलकातात तांची भाजप विधिमंडळ पक्षाचे फुडारी म्हणून निवड जाली. अधिकारी राज्याचे पयले भाजपाचे मुख्यमंत्री जातले. गृहमंत्री अमित शाह हांच्या हाजिरेंत जाल्ले पक्षाच्या विधीमंडळाच्या बसकेंत तांchi फुडारी म्हूण निवड जाली. बसकेत अधिकारी हांची बिनविरोध निवड जाली अशें शाह हाणी सांगलें. भाजप विधीमंडळ पक्षाचे फुडारी म्हणून वेंचून आयल्या उपरांत, सुवेन्दु अधिकारी हांणी पश्चिम बंगालचे राज्यपाल आर. एन. रवी हांची भेट घेतली आनी राज्यांत पयलें भाजप सरकार स्थापन करपाचो दावो केलो. विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपान इतिहासिक जैत मेळयलें आनी TMCची १५ वर्सांची सत्ता सोंपयली.

आयज सकाळीं ब्रिगेड परेड मैदानाचेर सरकारचो सोपूत विधी सुवाळो जातलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, गृहमंत्री अमित शाह, भाजपा अध्यक्ष नितीन नबीन, केंद्रीय मंत्री, आनी भारतीय जनता पक्षाची सत्ता आशिल्ल्या राज्यांचे मुख्यमंत्री ह्या सुवाळ्याक हजर रावतले. हो सुवाळो 'रवींद्र जयंती'च्या दिसा जाता देखून, सांस्कृतीक कार्यक्रम लेगीत ह्या कार्यावळीचो एक भाग आसतले.

Shah WB

अस्तंत बंगालांतलें भाजपा सरकार देशाच्यो शिमो सुरक्षीत करतले आनी राश्ट्रीय सुरक्षेतली सगळ्यांत मोठी उणीव पयस करताले. ते काल कोलकातात भाजपाच्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या आमदारांक उद्देशून उलयातले. शाह हाणी सांगलें, भाजपाचें जैत संघटनेचो विस्तार वा विचारसरणेची पुष्टी करप न्हय, तर राश्ट्रीय सुरक्षा घटमूट करप. आसाम, त्रिपुरा, आनी आतां अस्तंत बंगालांत भाजपा सरकारां आशिल्ल्यान आमी शिमेक अभेद्य किल्लो करतले अशें तांणी सांगलें. भाजपा सरकारा खाला अस्तंत बंगालांत घुसखोरी आनी गो-तस्करी अशक्य जातली अशें शाह हाणी स्पश्ट केलें.

TN

तमिळनाडूंत TVK प्रमुख सी. जोसेफ विजय हांच्या फुडारपणाखाल सरकार स्थापन करपाबाबतची अनिश्चितताय अजून चालूच आसा. टीव्हीकेक सरकार घडोवपा खातीर समर्थन दिल्ल्याचे अहवाल IUMLन न्हयकारल्ल्यान ह्या प्रकरणाक नवें वळण आयला.

आज जावपा आशिल्लो सोपूत विधी सुवाळो आतां जावचो ना, अशीय माहिती मुखार येता.

हाचे पयलीं, टीव्हीके-न असो दावो केल्लो की नट आनी राजकारणी विजय सरकार स्थापन करपाक तयार आसात. ताणीं काल परतून राज्यपालांची भेट घेतली आनी आपल्या कडेन बहुमत आशिल्ल्याचें सांगून सरकार स्थापन करपाचो दावो सादर केल्लो.

Puducherry

राष्ट्रीय लोकशाही आघाडीचे (NDA) मुख्यमंत्रीपदाचे उमेदवार एन. रंगासामी हांणी नायब राज्यपाल के. कैलासनाथन हांची भेट घेतली आनी पुदुच्चेरीत फुडलें सरकार स्थापन करपाचो दावो सादर केलो. रंगसामी हाणी चडश्या आमदारांच्या पाठिंब्याची पत्रा नायब राज्यपालांकडे सुपूर्द केली. ह्या वेळार एनडीए युतीचे आमदार आनी फुडारी तांच्या बरोबर आशिल्ले. ते पयलीं, एनडीए युतीच्या पक्षांच्या आनी वेंचून आयिल्ल्या आमदारांच्या बसकेंत रंगासामी हांची मुख्यमंत्रीपदाचे उमेदवार म्हणून निवड जाली. ह्या बसकेक केंद्रीय मंत्री आनी भाजपाचे केंद्रीय निरीक्षक डॉ. मनसुख मांडविया, भाजपाचे प्रदेशाध्यक्ष एस. रामलिंगम, आनी एनआर कॉँग्रेसचे फुडारी तशेंच आदले मंत्री लक्ष्मीनारायणन हे लेगीत हजर आशिल्ले.

CDS

सरकारान लेफ्टनंट जनरल एन.एस. राजा सुब्रमणी हांची फुडलो 'चीफ ऑफ डिफेन्स स्टाफ' (CDS) म्हणून नियुक्ती केल्या. ते जनरल अनिल चौहान हांचो जागो घेतले, जनरल चौहान यांचा कार्यकाळ ३० मे सोपता . संरक्षण मंत्रालयान स्पष्ट केला  की, पदभार स्वीकारल्याच्या दिसापासून ते 'लष्करी व्यवहार विभागाचे' सचिव म्हणूनही कार्य करतील.

Navy

सरकारान व्हायस एडमिरल कृष्ण स्वामीनाथन हांची नौदलाचे मुखेल म्हूण नेमणूक केल्या. सध्या व्हायस एडमिरल स्वामीनाथन अस्तंत नौदल कमांडाचे फ्लॅग ऑफिसर कमांडिंग इन चीफ म्हणून कार्यरत आसा अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलां.

Shah Review

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा आयतारा नवी दिल्लींत संभाव्य हुंवारच्या आनी उश्णतेच्या ल्हारांच्या परिस्थितीक फुडो करपा खातीर देशाच्या सज्जतेचो नियाळ घेवपा खातीर एका उंचेल्या पावंड्यावेल्या बसकेची येजमानकी चलैतले. बसके वेळार, शहा केंद्र सरकारच्या यंत्रणांच्या सज्जतेचें मूल्यांकन करतले, तशेंच जीवितहानी जावची न्हय आनी मालमत्तेचें उण्यांत उणें नुकसान जावचें, ह्या खातीर पूर्वसूचना प्रणाली,

साधनसंपत्तीची तैनाती आनी विंगड विंगड यंत्रणां मधल्या समन्वयाची पडताळणी करतले. तशेंच देशभरांत हातांत घेतिल्ल्या दीर्घकालीन हुंवार निवारण उपाययोजनांच्या प्रगतीचो ते नियाळ घेतले.

India Australia

भारत आनी ऑस्ट्रेलिया मदल्या संरक्षण धोरण चर्चाची १० वी आवृत्ती काल नवी दिल्लींत जाली.ह्या चर्चेचें फुडारपण भारताचे संरक्षण जोड सचिव अमिताभ प्रसाद आनी ऑस्ट्रेलियाच्या संरक्षण मंत्रालयाचे आंतरराष्ट्रीय धोरण विभागाचे पयले सहाय्यक सचिव बर्नार्ड फिलिप हांणी केलें. संरक्षण मंत्रालयान सांगलें, ह्या चर्चेक लागून भारत-ऑस्ट्रेलिया सर्वसमावेशक धोरणात्मक भागीदारीची परतून पुश्टी जाली. हे बसकेंत दोनूय वटांनी परस्पर संरक्षण सहकार्यांत हालींच जाल्ल्या प्रगतीक येवकार दिलो.

Naidu

नागरी विमानन मंत्री राम मोहन नायडू हांणी काल नवी दिल्लींत प्रॅट अँड व्हिटनी कंपनीचे जागतिक अध्यक्ष शेन एडी हांच्या फुडारपणाखाल आयिल्ल्या एका वरीश्ठ शिष्टमंडळाची भेट घेतली. एका सोशल मीडिया पोस्टांत मंत्र्यान सांगलें, भारतांत कंपनीची वाडटी गुंतवणूके वेल्यान दिसून येता कि 'ईझ ऑफ Doing बिझनेस' संबंधित केल्ल्या सुदारणांक लागून जागतिक 'मूळ उपकरण उत्पादक' देशात आपली उपस्थिती घटमूट करपाक कशें प्रोत्साहित जाता.

Goyal

वेपार आनी उद्योग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल लोरियल ग्रुप चे दक्षिण आशिया पॅसिफिक, मध्य उदेंत आनी उत्तर आफ्रिका विभागाचे अध्यक्ष विस्मय शर्मा हांच्या फुडारपणाखाल आयिल्ल्या एका शिष्टमंडळा वांगडा बसका घेतली. एका सोशल मीडिया पोस्टांत गोयल हांणी सांगलें, भारतांतल्यान सोबीतकाय आनी वैयक्तीक जतनाय उत्पादनांची खरेदी, उत्पादन आनी निर्यात घटमूठ करपा संदर्भांत ह्या बसकेंत चर्चा जाली. लोरियल ग्रुपान हालींच हैदराबाद हांगा जगांतलें सगळ्यांत व्हडलें ' Beauty Tech Global Capacity Centre सुरू केल्या उपरांत, भारताच्या सोबीतकाय आनी

वैयक्तीक जतनाय उद्योगाखातीर आनीक संदि निर्माण करपाच्या विविध मार्गांचेरय ह्या बसकेंत भासाभास जाली अशें ताणीं मुखार सांगले.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान IMD येत्या दोन दिसां खातीर केरळ, माहे, लक्षद्वीप, दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कारायकल वाठारांत उटनगराचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान आयज उदेंत उत्तर प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, मराठवाडा, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, आंध्र प्रदेशांतलो दर्यादेगेवेलो वाटार आनी आंतरीक कर्नाटकाचेर गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास आसा.

ओडिसा, रायलसीमा, तेलंगणा, कोंकण, गोंय, कर्नाटकाचो दर्यादेगेवेलो वाटार, अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर आनी ईशान्य भारतांतल्या राज्यांनी लेगीत अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा. तेच बरोबर गुजरात आनी अस्तंत राजस्थान वाठारांत बिरेस्तार मेरेन उश्णतेची लाट येवपाची शक्यताय आसा.

IPL

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत, काल रातीं दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमांत कोलकाता नाईट रायडर्सान दिल्ली कॅपिटल्सचेर ८ विकेटींनी जैत मेळयलें. आज जयपूरच्या सवाई मानसिंग स्टेडियमांत राजस्थान रॉयल्स आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं खेळ जातलो. हो खेळ सांजवेळा ७.३० वरांचेर सुरू जातलो.

Announcement

आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो.

निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.